Panaji regional  news

27 .04.2025…7.20pm

## मन की बात

हलगाम आतंकवादी हल्ल्याच्या गुन्यांवकारांक  फावो ती जाप दितले अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आय ज आकाशवाणीचेर  मन की बात कार्यावळींत राष्ट्राक संबोधीत करतना सांगलें. श्री मोदी हांणी ह्या म्हयन्याच्या 22 तारखेक पहलगामांत jalya आतंकवादी घडणुके विशीं  दुख्ख उक्तायल. हो हल्लो आतंकवादाच्या आश्रयदात्यांची निराशा आनी bhitrepan दाखयता अशें तांणी सांगलें. काश्मीरांत शांतताय परतून येता, लोकशाय घटमूट जायत आसा, पर्यटक विक्रमी प्रमाणांत वाडत आसात हाचेर भारत आनी जम्मू-काश्मीराचे दुस्मान खोशी नात अशें तांणी सांगलें. आतंकवादाच्या ह्या झुजांत देशाचो एकवट आनी 140 कोटी भारतीयांचो एकचार सगळयांत व्हडली बळगें आसा, अशें प्रधानमंत्र्यान स्पश्ट केलें. हो एकचार होच देशाच्या आतंकवादाच्या निर्णायक झुजाचो आदार अशें तांणी सांगलें. ह्या आव्हानाक तोंड दिवपाचो संकल्प घटमूट करपाची गरज आसा अशें तांणी सांगलें

दोन दीस आदीं निधन जाल्ल्या डॉ. विज्ञान, शिक्षण आनी भारताच्या अंतरिक्ष कार्यावळीक नवी उंचाय दिवपाक डॉ कस्तूरीरंगन हांणी दिल्लें योगदान सदांच याद उरतलें अशें तांणी सांगलें.

एप्रीलांत आर्यभट्ट उपग्रह सुरू जावपाक 50 वर्सां जालीं हें vishi khos uktayli. 50 वर्सांचो हो प्रवास फकत खात्रीन सुरू जालो अशें ताणें पळयलें. तेन्नाच्या तरणाट्या शास्त्रज्ञांक आधुनीक साधनां नाशिल्लीं आनी संवसारीक तंत्रगिन्यानाचीय संद नाशिल्ली अशें श्री मोदी हांणी आयकप्यांक सांगलें. बैलगाडयो आनी सायकलींचेर शास्त्रज्ञ स्वता गंभीर उपकरणां व्हरताले अशें तांणी सांगलें. ह्याच समर्पण आनी राष्ट्राक सेवा दिवपाच्या भावनांचोच परिणाम भारत एक जागतीक अंतरिक्ष शक्त जाला अशें तांणी भर दिलो. भारतान एकाच वेळार 104 उपग्रह प्रक्षेपण करून विक्रम तयार केला असो अभिमान तांणी

उक्तायलो.चंद्राच्या दक्षिण ध्रुवाचेर पावपी भारत पयलो देश जाला अशें श्री मोदी हांणी सांगलें.

तशेंच भारतान मंगळ ऑर्बिटर मिशन सुरू केलां आनी आदित्य-एल 1 मिशनांतल्यान सुर्याक सामके लागीं पावलां अशें तांणी सांगलें. आयज भारत पुराय संवसारांतल्या सगळयांत चड खर्चीक पूण यशस्वी अंतरिक्ष कार्यावळींत फुडाकार घेता. संवसारांतले जायते देश आपल्या उपग्रह आनी अंतरिक्ष मिशनां खातीर इसरोचो आदार घेतात अशें प्रधानमंत्री फुडें सांगलें. भारतान खाजगी क्षेत्रा खातीरय आपलो अंतरिक्ष क्षेत्र उक्तो केला अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें. आयज जायते तरणाटे स्पेस स्टार्टअपाच्या मळार नवे मार्गदर्शक तत्वां साध्य करतात.धा वर्सां आदीं एकूच कंपनी आशिल्ली, पूण आयज देशांत 325 परस चड स्पेस स्टार्टअप काम करतात अशें श्री मोदी हांणी नदरेक हाडलें. फाटल्या म्हयन्यांत म्यानमारांत आयिल्ल्या भूंयकांपा विशीं उलयतना प्रधानमंत्री हांणी सांगलें, भारतान रोखडीच ऑपरेशन ब्रह्म सुरू केल्या, ताका लागून मदत आनी बचाव कार्यावळींत मजत मेळटली. वायुसेनेच्या विमानां सावन नौदलाच्या जहाजां मेरेन शेजारच्या देशाक मजत करपा खातीर सगळी मजत धाडल्या अशें तांणी सांगलें.

## ताळगाव भाजप मेळावो

पहलगाम आतंकवादी हल्ल्याचो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी निश्चीतपणान बदलो घेतले, असो विस्वास मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी उक्तायलो. भौशीक बांदकाम, गोंय लोकसेवा आयोग तशेंच विवीध खात्यांनी येवपी दोन वर्सांत १० ते १२ हजार नोकऱ्यो तयार जातल्यो. हांतल्यो ४ हजार नोकऱ्यो ह्या मनीस संसाधन महामंडळा वतीन भरतले. केंद्र तशेंच राज्य सरकाराक तरणाट्यांच्या फुडाराची सदांच हुस्को आसता. रोजगार उपलब्ध जावपा खातीर विवीध अभ्यासक्रम तशेंच उपक्रम सरकारान सुरू केल्यात, ताळगांवां भाजप मेळाव्यांत उलयतना मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी हें वक्तव्य केलें.

भारतीय जनता पक्षाचो ताळगांवां मेळावो जालो. ह्या वेळार प्रदेश अध्यक्ष दामू नायक, आमदार जेनिफर मोन्सेरात, सिद्धार्थ कुंकळयेंकार आनी हेर मानेस्त हजर आशिल्ले.

जे उच्चशिक्षाविभुशीत आसात, तांकां नोकऱ्यो मेळटल्योच. मात धावी, बारावेक नापास जावपी तरणाट्यांचोय सरकाराक हुस्को आसा. हाका लागून कुशळटायेचेर आदारीत अभ्यासक्रम सुरू

केल्यात. अप्रेंटिशीप येवजणेचो १४ हजार तरणाट्यांक लाव जाला. हे येवजणेक तरणाट्यांक़ कामाचो अणभव मेळळो. तशेंच कामाची म्हायतीय मेळळी, अशें मुखेलमंंत्रयांंनी म्हणलें.

भारतीय जनता पक्ष हो फक्त देशा खातीरुच काम करपी पक्ष. देशहीत पयलें, हें पक्षाचें तत्व. पहलगामच्या आतंकवादी हल्ल्याक लागून देश परत चिंतेस्त जालो. आतंकवाद आनी आतंकवाद्यांक योग्य तरेन जाप दिवपाक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी समर्थ आसात. १९४७ ते १९९० मेरेन तेन्नाच्या राज्यकर्त्यांक लागून आतंकवाद वाडलो. 'काश्मिर फायल्स' हो चित्रपट पळयल्यार आतंकवाद्याचें भिरांकूळ चित्र मुखार येता.

प्रदेश भाजप अध्यक्षपदाची सुत्रां हातांत घेतल्यार दामू नायक हांणी आयज १०० दीस पुराय केले. ह्या निमतान तांच्या कामाचेर आदारून 'आमचो दामू नायक १००' हो विडीयो प्रदर्शीत केलो.

## पुरस्कारा खातीर अर्ज

गोंय राजभास संचालनालयान गोंयांत कोंकणी मराठी आनी संस्कृत भाशेच्या मळार भोव मोलादीक योगदान दिल्ल्यांखातीर २०२३,२०२४, आनी २०२५ वर्साच्या भाशा पुरस्कारा खातीर अर्ज मागयल्यात.गोंयांत रावपी आनी उण्यांत उणे ५० वर्सां अध्यापन,अणकार आनी लेखन आदी प्रकारांतल्यान भाशेचो प्रचार करपी मूळ गोंयकार आशिल्ले व्यक्तीन ह्या पुरस्कारां खातीर अर्ज करूं येता.राजभास संचालनालयान जाहीर केल्ल्या पुरस्कारा मदीं

दुर्गाराम उपाध्ये यादस्तीक संस्कृत भास पुरस्कार,ध्यानपीठ पुरस्कार जैतीवंत रवींद्र केळेकार यादस्तीक कोंकणी भाशा पुरस्कार,तशेंच बा.द.सातोस्कार यादस्तीक मराठी भाषा पुरस्कारांचो आस्पाव आसा.संबंदीत पुरस्कारा विशीं सविस्तर म्हायती खातीर अर्जदारांनी पणजेंतलया जुंता हावसातल्या राजभास संचालनालयाचे कार्यालयांत संपर्क सादचो अशें कळीत केलां.पुरस्काराखातीरचीं अर्जीपत्रां राजभास संचालनालयाचे कार्यालयांत उपलब्ध आसात.पुराय म्हायतीसकट भरिल्ली अर्जीपत्रां ९ मे २०२५ मेरेन कार्यालयांत सादर करचीं अशें जाळवणदारानी कळीत केलां.

## ग्रामसभांचो दीस

आयज राज्यांतल्या ग्रामपंचायतींच्या ग्रामसभांचो दीस. गावा मुखार आशिल्ल्या प्रस्नांचेर भासाभास करप आनी तांकां सकारात्मक जापो सोदप हे चड करून ग्रामसभा बसकेचे विशय आसतात. फोंडा तालुक्यांतल्या केरी ग्राम पंचायतीची ग्रामसभा सरपंच त्रुप्ती नाईक हांच्या अध्यक्षतेखाला जाली. ह्या ग्रामसभेंत सगळया पंच वांगड्यां सयत गांवचे नागरीक हाजीर आशिल्ले. कितल्याशाच वर्सां आदीं भूतखांब पठाराचेर उबारपा आशिल्लो नायलॉन ६६ प्रकल्प रद्द जाले उपरांत अजून त्या सुवातेर एक्कुय हरीत प्रकल्प येवंक ना अशें दुख्ख गांवकारांनी उक्तायलें. ह्या वाठाराचे आमदार आनी खासदार हांकां आपोवन गांवचे उदरगती खातीर रोजगारक्षम हरीत प्रकल्प प्रस्ताव तांचे मुखार मांडपाचो थाराव आयच्या केरी ग्रामसभेंत एकमतान संमत जालो. गांवा खातीर खंयचे प्रकल्प आसूं येतात हाचेर अभ्यास करपा खातीर भारतीय स्टेट बँकेचे वेवस्थापक गांवचे नागरीक गोपाळ केरकर हांकां समन्वयक म्हणून एकमतान वेंचून काडले.

## शारदा ग्रंथ प्रसारक

फोंडेच्या श्री शारदा ग्रंथ प्रसारक संस्थेच्या वतीन आयज दुसरो श्री शारदा साहित्य पुरस्कार भेटवण सुवाळो फोंड्यांत जालो.हो सुवाळो फोंडेच्या थ्रीफ्ट सोसायटिच्या सभाघरांत जालो.सुवाळयाक मुखेल सोयरे म्हण नामनेचे साहित्यीक प्राचार्य डो.अरुण हेबळेकार हाजीर आशिल्ले.पुरस्कार सुवाळयाची सुरवात मुखेल सोयर्यांचे हस्तुकीं परंपारीक दिवली पेटोवन जाली.

श्री शारदा ग्रंथ प्रसारक संस्थेच्यो अध्यक्ष गीता सोमण हाणी येवकाराचे उलोवप केलें.संगिता अभ्यंकर हाणी मुखेल सोयर्यांची वळख करुन दिली.उपरांत मुखेल सोयरे गों.हेबळेकार हांचे हस्तूकीं अंदू वर्साचो मानवी देसाय यादस्तीक साहित्य पुरस्कार अंजली आमोणकार हांका भेटयलो.तेच प्रमाण दो.विभा लाड,मुग्धा शेकर बोरकार,कविता बोरकार,दो.रेवा दुभाशी,प्रतिभा कारंजकर,दो.विध्या प्रभूदेसाय,दो.तरुजा भोसले,नंदीनी माजीक,चित्रा क्षिरसागर,दो.निता तोरणे,सचीन मणेरिकर,तृप्ती बांदेकार,हांकांय हेर वर्सुकी पुरस्कार भेटोवन सुवाळ्यांत भोवमानीत केले.

## आनी आतां हवामान

राज्यांत चडांत चड आनी उण्यांत उणे तापमान वाडिल्ल्यान राज्यांतली गरमी वाडल्या.पणजेचें तापमान चडांत चड ३५.५ अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणे तापमान २७.५ अंश सेल्सियस इतलें नोंद जालां.हवामान खात्यान फुडल्या सात दिसांखातीर राज्यांत चडांत चड तापमान ३५ तें ३६ अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणें तापमान २६ तें २७ अंश सेल्सियस मदीं आसतलें असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.फुडल्या ३ तें ४ दिसांत चडांत चड तापमान १ तें २ अंश सेल्सियस वाडपाची शक्यताय आसा.२८ एप्रीलसावन २ मे मेरेन राज्यांतलें हवामान सुकें उरपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.

१ मार्च ते २७ एप्रील मजगतीं राज्यांत सरासरी १२.८ मिमी आडवेळो पावस नोंद जाला.